Panaji

Regional News

21st March 2026 7.20pm

- गोंय शालांत मंडळाचो बारावी फेब्रुवारी २०२६ परीक्षेचो निकाल ९२.९६ टक्के इतलो लागला.
- देशांतल्या सगळ्या वीज वितरण कंपनीं DISCOMs मदीं 'वीज वितरण' मळार गोंयान तिसरी सुवात मेळयल्या.
- गोंय नियोजन, सांख्यिकी आनी मूल्यांकन संचालनालयान गोंयांतल्या जनगणना 2027 च्या वेळापत्रकाची म्हायती दिवपी अधिसुचोवणी जारी केल्या.
- केंद्र सरकाराचे पिवपाचें उदक आनी स्वच्छता खाते, जल शक्ती मंत्रालय आनी गोंय सरकार हांचे मदीं 'जल जीवन मिशन २.०' सखयल समजिकाय कबलात जाली.

गोंय शालांत मंडळाचो बारावी फेब्रुवारी २०२६ परीक्षेचो निकाल ९२.९६ टक्के इतलो लागला. आज सांजे ५ वरांचेर शालांत मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेटये हांणी परवरी कार्यालयात निकालाची रीतसर घोशणा केली. सविस्तर निकाल असो आसा.
कला फांटो - ९२. २१ टक्के
वाणिज्य फांटो - ९२.९० टक्के
विज्ञान फांटो - ९३. ९० टक्के आनी व्यावसायीक फाटो ९२. २७ टक्के इतलो लागला. ओंदू हे परीक्षेक चलयांचो निकाल ९३. ९३ टक्के जाल्यार चल्यांचो निकाल चलयां परस उणो म्हळयार ९१. ८९ टक्के इतलो लागलो. वट्ट १७ हजार २८३ विद्यार्थी परीक्षेक बशिल्ले तांतूतले १६ हजार ६५ विद्यार्थी पास जाले. पणजी , नुवें आनी पिलार केंद्राचो निकाल १०० टक्के लागला जाल्यार सगळयांत उणो म्हळयार ८१ टक्के इतलो निकाल माशेल केंद्राचो लागला.

भारताच्या ऊर्जा क्षेत्रातल्या फुडारा संधर्भात चर्चा करपाखातीर आनी नवकल्पना प्रदर्शीत करपाखातीर, भारत सरकारच्या ऊर्जा मंत्रालयामार्फत,आयोजित केल्लो ‘भारत इलेक्ट्रिसिटी समिट’ हा जागतिक व्यासपीठ, सध्या नवी दिल्लीतल्या यशोभूमीत सुरु आसा. देशांतल्या सगळया वीज वितरण कंपनीं DISCOMs मदीं ‘वीज वितरण’ मळार गोंयान तिसरी सुवात मेळयल्या.

वीज आनी नवी आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्री सुदीन ढवलीकार भारत इलेक्ट्रिसिटी समिट वांगडाच जाल्ल्या ऊर्जा मंत्र्यांच्या बसकेंत भाग घेतलो. ऊर्जा मंत्री मनोहर लाल खट्टर हाणी ह्या बसकेची येजमानकी चलयली.

देशभरात राज्यांत तिसरी सुवात मेळययलाय खातीर धवलीकर हाणी खोस उक्तायली आणि या यशाचे श्रेय वीज खात्याच्या नियोजित आनी सुव्यवस्थित कार्यपद्धतीक दिले. मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणा खाला वीज खात्यान मुळाव्या साधनसुविधांचो विकास आनी वीज वितरण जाळयाचे आधुनिकीकरणा संबंदीत जायते महत्वाकांक्षी प्रकल्प यशस्वीपणान चालीक लायल्यात;

गोंय नियोजन, सांख्यिकी आनी मूल्यांकन संचालनालयान गोंयांतल्या जनगणना 2027 कार्यावळीं खातीरच्या वेळापत्रकाची म्हायती दिवपी अधिसुचोवणी जारी केल्या. जनगणनेचो पयलो पांवडो 16 एप्रील ते 15 मे 2026 ह्या काळांत जातलो. तातूंत घरांची मेजणी जातली. तातूंत घराची स्थिती, घरांतल्यो सोयी- सुविधा आनी आनी हेर म्हायती एकठांय करतले.ऑनलायन पद्दतीन सेल्फ एन्युमरेशन 1 ते 15 एप्रील 2026 ह्या काळांत करप शक्य आसतलें.

जनगणनेचो दुसरो पांवडो फेब्रुवारी 2027 वर्सा जातलो, उपरांत 1 मार्च ते 5 मार्च 2027 मेरेन रिव्हीजन फेरी जातली.

नागरीकांनी जनगणना अधिकाऱ्यांक पुरायपणान सहकार्य करपाचे आनी अचूक म्हायती दिवपाचे आवाहन ह्या वेळरा गोंय नियोजन, सांख्यिकी आनी मूल्यांकन संचालनालयान केलां. जनगणनेचो डेटा धोरण नियोजन, शासन आनी मतदारसंघांची मर्यादा घालपाक म्हत्वाचो आसा. जनगणनेच्या प्रस्नांक मुद्दाम खोटी जाप दिवपी नागरीकांक एक हजार रुपया मेरेन दंड भरचो पडटलो अशें संचालनालयान काडील्लया अधिसुचोवणेंत म्हणलां.

कोयर वेवस्थापनांत शाळा आनी थळाव्या संस्थांनी केल्ल्या यत्नांचो भोवमान करपा खातीर सांखळींत Smart Waste Champion पुरस्कार घडोवन हाडलें. Sampurna Earth Environment Solutionsच्या सहकार्यान, गोदरेज कंज्युमर प्रोडक्ट्स लिमिटेडच्या सीएसआर कार्यावळी खाला दिल्ल्या tekyan गोंयच्या मिनरल फावंडेशनान हो उपक्रम घडोवन हाडलो. ह्या कार्यावळीक गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळ आनी गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान आदार दिलो. सर्ती अंतर्गत नवदुर्गा हायस्कूल (पाले) आणि युनिटी हायस्कूल (वाळपई) हांका पुरस्कार दिवन सन्मानित केले.

तशेंच सांखळी नगरपालिके वांगडा Mhaushi, Harvalem, Parye आनी दावोर्ली-थाणे ग्राम पंचायतींचोय कोयराच्या प्रभावी वेवस्थापनांत केल्ल्या योगदाना खातीर भोवमान केलो.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी भारत सरकाराचे पिवपाचें उदक आनी स्वच्छता खाते, जल शक्ती मंत्रालय आनी गोंय सरकार हांचे मदीं 'जल जीवन मिशन २.०' सखयल जाल्ल्या समजिकाय कबलातीचेर (MoU) ऑनलायन पद्धतीन सय केली. ह्या वेळार केंद्रीय जल शक्ती मंत्री सी. आर. पाटील , गोंयचे पिवपाचें उदक आनी समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय आनी हेर वरीश्ठ अधिकारी हाजीर आशिल्लेगोंयान १००% दरेक ग्रामीण घरांत नळाचें उदक पावोवपाचें काम पूराय केलां अशी म्हायती मुख्यमंत्र्यांनी दिली. ह्या घट बुन्यादीचेर आदारून, आतां JJM २.० सखयल सेवेची गुणवत्ता, सुस्थिरता आनी दीर्घकालीन कार्यक्षमतेचेर भर दितले.ह्या कबलातीरवी डिजिटल प्लॅटफॉर्म, डॅशबोर्ड, जिओ-टॅगिंग आनी रिअल-टाइम डेटा हांच्या वरवीं देखरेख दवरपाची प्रगत प्रणाली,पारदर्शकता, कार्यक्षमता आनी उदक सेवा व्यवस्थापन सुदारपा खातीर नव्या तंत्रज्ञानाचो वापर,मानवी संसाधनांचे क्षमतावर्धन आनी प्रशिक्षण, जातूंत गांव पावंड्यार उदक व्यवस्थापन पंगडां खातीर कौशल्य विकास कार्यक्रमांचो आस्पाव आसा.बुन्यादी सुविधा कायमस्वरूपी चालू उरपा खातीर स्थिर संचालन आनी देखभाल आराखडो चालीक लावपाक भर दितले अशे ह्या वेळार मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

फाटल्या 79 वर्सां सावन शिक्षणाच्या मळार उल्लेखनीय वावर करपी आनी जायत्यो यशस्वी विद्यार्थ्यांच्यो पिळग्यो निर्माण करपी आयडियल एज्युकेशन सोसायटीचे शिक्षण संकुल केपे हांगा बांदपाचे आसून या भव्य शिक्षण संकुल प्रकल्पाचो बुन्यादी फातर शेनवारा 28 मार्चाक घालतले.

समाज कल्याण मंत्री आनी शिक्षण संकुल समितीचे अध्यक्ष सुभाष फळदेसाय हांच्या हस्तुकी हो सुवाळो सकाळीं 11 वरांचेर जातलो.

आयज केपे हांगा आयोजीत केल्ले पत्रकार परिशदेंत मंत्री फळदेसाय हांणी ही म्हायती दिली. ह्या वेळार आयडियल एज्युकेशन सोसायटीचे अध्यक्ष राजीव सुखटनकार, भांडारी हर्षा रेगे, कार्यकारी वांगडी सुशांत कुंकळयेकार, शाळेच्यो मुख्याध्यापिका रश्मी डिसोजा आनी सरिता आफोंसो  हाजीर आशिल्ले.

केपे कुस्मण हांगांच्या प्रशस्त अशा वाठारांत उभे जावपी हें संकुल आधुनीक सुविधांनी सज्ज आसतलें. हो प्रकल्प तीन टप्प्यांनी पुराय जातलो आनी पयल्या टप्प्याचेर काम ह्या म्हयन्याच्या निमाणे मेरेन सुरू जातलें. सुमार 2,800 चौखण मिटर वाठारांत 35 वर्गांची बरी सुसज्ज दोन माळयेची इमारत बांदतले आनी ह्या टप्प्याचो खर्च सुमार 8 कोटी रुपया आसतलो अशें फळदेसाय हांणी सांगलें.

लाल बहादुर शास्त्री राष्ट्रीय प्रशासन अकादमी, भारत सरकारातल्या  2025 च्या बॅचितल्या इकरा आयएएस अधिकारी प्रशिक्षणार्थींच्या पथकान तांच्या  हिवाळी अध्ययन भोंवडेचो भाग म्हणून काल आयसीएआर–केंद्रीय किनारी कृषी संशोधन संस्थेक भेट दिली.

संस्थेचे संचालक डॉ.परवीन कुमार हांणी प्रशिक्षणार्थींक येवकार दिलो. भारतीय शेतीच्या गौरवशाली प्रवासाची म्हायती दिवन तांणी भारतीय कृषी संशोधन परिषद प्रणाली आनी राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा मळार ताच्या योगदाना विशी मार्गदर्शन केले.

वेधशाळेनं उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण फुडलें स दिस राज्यांत चडांत चड तापमान 33-34 °C जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 23-24 °C आसपाची शक्यताय आसा.

आयएफएल 2025-26 सर्तींत गोकुलम केरलान धेंपो एससीक 2-0 गोलान हारयले. ह्या सर्तींत गोकुलमाचे हें पयलें जैत थारलें.दोनूय पंगडांनी आक्रमक सुरवात केल्ली. मात, 19व्या मिणटाकमोसेस लालरिनझुआलान गोल करून गोकुलमाक 1-0 अशी आघाडी मेळोवन दिली. ह्या जैतान गोकुलम पांचवे सुवातेर

पावलो, जाल्यार धेंपो क्लब तळाक उरलो.